14th June 2025 सकाळी - 8.40

मुखेल खबरो

- सरकारान, अहमदाबाद विमानतळ अपघाता फाटल्या कारणांचो तपास करपाखातीर, एक उंचेल्या पावडयावेली बहुपक्षीय समिति स्थापन केल्या.

- इराणान इझ्राएलाचेर हल्लो करून, इझ्राएलाच्या शारांचेर शेंकड्यांनी क्षेपणास्त्रां आनी ड्रोन सोडले.

- येता त्या म्हयन्यां खातीर देशांत फावो तितली इंधन पुरवण आसा, अशें केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप पुरी हांणी सांगलें.

- उत्तर भारतांत, उश्णतेची खरसाण कायम. काय वाठारांनी तापमान ४५ अंश सेल्सियस मेरेन वाढला. राजस्थानांत रेड अलर्ट जारी.

- जर्मनींतल्या म्यूनिकांत जाल्ल्या ISSF विश्वचषकांत, बायलांच्या 10 मीटर हवाई पिस्तूल सर्तीच्या फायनलींत, भारताची सुरुची सिंग हिणें भांगरा पदक जिखलां.

## AI CRASH-COMMITTEE - 90

बिरेस्तारा अहमदाबाद ते गॅटविक विमानतळ (लंडन) वचपी एअर इंडिया फ्लाईट **AI-171** च्या अपघाता फाटल्या कारणांची तपासणी करपाखातीर सरकारान एक उंचेल्या पावडयावेली बहुपक्षीय समिति स्थापन केल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत नागरी विमानन मंत्रालयान सांगलां की**,** समिती सद्याची मानक संचालन प्रक्रिया (एसओपी) आनी अशी घडणूक आडावपा खातीर आनी हाताळपा खातीर जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांची तपासणी करतली.तशेंच फुडाराक अशा प्रसंगांक तोंड दिवपा खातीर व्यापक मार्गदर्शक तत्वां सुचयतले.संबंदीत संघटनांनी केल्ल्या हेर चवकशींक ही समिती पर्याय आसची ना पूण फुडाराक अशी घडणूक आडावपा खातीर आनी हाताळपा खातीर एसओपी तयार करपाचेर लक्ष केंद्रीत करतली अशें सरकारान सांगलें.

इराण - 110

इराणान शुक्रारा रातीं, इझ्राएलाचेर हल्लो करून इझ्राएलाच्या शारांनी शेंकड्यांनी क्षेपणास्त्रां आनी ड्रोन सोडले. हाका तेहरानान, "Operation Severe Punishment" अशें म्हळा. ह्या व्हड बॅरेजान इझ्राएलात हवाई हल्ल्याचे सायरन धाडले. तेल अवीव आनी जेरुसलेमात स्फोटाक लागून, लाखांनी नागरीकांक आश्रय सोदचो पडलो. १९८० च्या दशकांत, इराका वांगडा जाल्ल्या झुजा उपरांत, इझ्रायलान इराणाचेर आपलो सगळ्यांत म्हत्वाचो लश्करी हल्लो केलो. तानी अणुकेंद्रीय सुविधांक लक्ष्य केले आनी वरिश्ठ लश्करीक मारून उडयले. फकत कांय वरां उपरांत, इराणाचो हो हल्लो जाला. इराणाचे सर्वोच्च फुडारी आयातल्ला अली खामेनी हाणें, इझ्राएलान झुज सुरू केलां अशें जाहीर केलें आनी हे झूज वेदनादायि आसतलें, इझ्राएलांत खंयच सुरक्षीत आसचे ना, अशें सांगला. इराणी राज्य माध्यमांनी ह्या व्हड क्षेपणास्त्र हल्ल्याक, इझ्राएलाच्या आक्रमणा आड ‘विध्वंसक प्रतिकार’ अशें म्हळें.

हरदीप पुरी -

येता त्या म्हयन्यां खातीर देशांत फावो ती उर्जा पुरवण आसा, अशें केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप पुरी हांणी सांगलें. काल पेट्रोलियम सचीव आनी भारतीय भौशीक क्षेत्रांतल्या उपक्रमांच्या उर्जा मुखेल्या वांगडा, नियाळ बसका घेतले उपरांत तांणी सोशल मिडिया पोस्टांत, ही म्हायती दिल्या. काल इझ्राएलान इराणाचेर हल्लो केल्या उपरांत, आंतरराष्ट्रीय तेलाचे दरांत व्हड प्रमाणांत वाड जाल्ल्याचें मतींत घेतल्यार, मंत्र्यानी दिल्ल्या तेल पुरवण म्हायतेक म्हत्व आसा. भारत वर्साक १५० अब्ज अमेरिकन डॉलर मोलाची उर्जा आयात करता आनी आयात केल्ल्यान, कच्च्या तेलाची गरज ८० टक्क्यांवयर भागता.

**REV. MORN. PM- ISRAEL - 75**

इझ्राएलचे प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतन्याहू हाणी काल अस्तंत आशियांतल्या सध्याच्या परिस्थिती विशीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां फोनाचेर म्हायती दिली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें, नेतन्याहू कडेन केल्ल्या उलोवपांत प्रादेशिक शांतताय आनी स्थिरताय बेगीन परतून हाडपाचाय गरजेचेर तांणी भर दिला.
इझ्राएलाचे परराश्ट्र मंत्री गिदोन सार हांणीय परराश्ट्र मंत्री डॉ एस जयशंकर हांकां फोनाचेर सध्याच्या घडामोडीं विशीं म्हायती दिली. जयशंकर हांणी इराणचे परराश्ट्र मंत्री सेय्यद अब्बास अरागची हांचे कडेनय ह्या वाठारांतल्या ताज्या परिस्थितीचेर चर्चा केली.

आयुष मंत्रालय -

आयुष मंत्रालय आयज नवी दिल्लींत हायब्रीड माध्यमात 'योगा कनॅक्ट' ही 'योग फॉर वन अर्थ, वन हेल्थ' ह्या संकल्पनेचेर जागतीक शिखर परिशदेचें आयोजन करतलें. ह्या म्हयन्याच्या 21 तारखेक जावपी, इकराव्या आंतरराष्ट्रीय योग दिसा, एक मुखेल फुडारपण म्हणून ही शिखर परिशद घडोवन हाडल्या. आयज जावपी ह्या कार्यावळींत 1 हजार वयर लोक एकठांय येतले, तशेंच संवसारभरांतल्या मुखेल आंतरराष्ट्रीय योग संस्थांचे आनी वेलनेस समुदायांतले लोक आभासी पद्‌दतीन हाजीर आसतले. बहरीन, यूएस, युनायटेड किंगडम, दक्षिण कोरिया सयत चार परस चड देशांतले तज्ञ, ह्या शिखर सभेंत वांटो घेतले. 'द योग प्रभाव’ हो आंतरराष्ट्रीय योग दिसाचो परिणाम सांगपी अहवाल, ह्या शिखर सभे वेळार जाहीर जातलो.

**BREAK**

जयशंकर फ्रांस -

युरोपा कडेन, खास करून फ्रांसा कडेन भारताचे एकठांय येवप आनी

हितसंबंदांच्या मार्गदर्शना खाला आशिल्ली रणनितीची खोलाय वाडत आसा, हाचेर परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणी भर दिला. फ्रांसाच्या मार्सेलांत जाल्ल्या रायसीना मेडिटेरेनियन २०२५ परिषदेत उलयतना तांणी सांगलें की फ्रांस हो, जायत्या तरांनी युरोपांतलो, भारताचो सगळ्यांत विस्वासपात्र भागीदार आसा. भूंयमध्य दर्या वाठारांत भारताची आवड आनी वेपार तशेच लोकां मदल्या संबंदाक लागून जावपी भागीदारीचें म्हत्व, जयशंकर हांणी सांगले. युरोपीय संघटने कडेन मुक्त वेपार करार-एफटीए करपविशीं डॉ जयशंकर हांणी सांगलें, कि ह्या वर्सा भितर ती कबलात करपाची दोनूय देशांचो विचार आसा. भारत युरोपीय संघटने वांगडा संरक्षण आनी सुरक्षा भागीदारी करपाचो यत्न करता. ह्या म्हयन्याच्या निमाणे मेरेन दोनूय वटांचे वेपार मंत्री आनीक चर्चा करपा खातीर एकठांय येतले, असोय उल्लेख डॉ जयशंकर हांणी केला.

शूटिंग -

शूटिंगांत जर्मनींतल्या म्यूनिकांत जाल्ल्या ISSF विश्वचषकांत जाल्ल्या, बायलांच्या 10 मीटर हवाई पिस्तूल फायनलींत, भारताची सुरुची सिंग हिणें भांगरा पदक जिखलां. तिणें फ्रांसाच्या कॅमिलीक 0.2 गूणांच्या अंतरान, वट्ट 241.9 गूण मेळोवन हारयली. चीनाचो याओ कियान-क्सुन हाणें 221.7 गूण मेळोवन,कांस्य पदक मेळयलें. 10 मीटर हवाई पिस्तूल सर्तींत, ISSF विश्वचषकांत सुरुचीचें हें सेगीत तिसरें वैयक्तीक भांगरा पदक आसा.

FIH - 100

एफआयएच हॉकी प्रो लीगांत आयज भारतीय दादले आनी बायलांचो पंगड खेळटलो. भारतीय दादल्यांचो पंगड बेल्जियमांतल्या अँटवर्पांत ऑस्ट्रेलिये आड खेळटलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण दनपारां 2 वरांचेर सुरू जातली. 12 मॅचींनी 15 भारतीय पंगड गुणतालिकेत पांचव्या सुवातेर आसा. जाल्यार, बायलांचो हॉकी पंगड लीगच्या दुसऱ्या आनी निमाण्या पावडयात सुरवात करपाचो आसा, युरोपीय लीगांत ऑस्ट्रेलिया, आर्जेन्टिना, बेल्जियम

आनी चीन हांचे आड खेळटलो. भारतीय बायलांचो पंगड लंडनांत ऑस्ट्रेलिये आड खेळटलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 5:30 वरांचेर सुरू जातली. हाचे उपरांत भारतीय पंगड 21 आनी 22 जून दिसा अँटवर्पांत बेल्जियम आड आनी 28 आनी 29 जून दिसा बर्लिनांत चीना आड खेळटलो.

IMD -

उत्तर भारतांतल्या जायत्या वाठारांनी, उश्णतेची खरसाण तशीच आसा. तापमान ४५ अंश सेल्सियस मेरेन वाढला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण, राजस्थानांतल्या श्रीगंगानगर वाठारांत 47.3 अंश सेल्सियस जाल्यार, हरियाणाच्या सिरसा वाठारांत, तापमान 46.4 अंश सेल्सियस मेरेन पावला. भारतीय हवामान खात्यान, राजस्थानात रेड अलर्ट जारी केला. फुडले दोन ते तीन दीस ह्या वाठारांत, धुल्लाच्या वादळा वांगडाच, खर उश्णतायेच्या ल्हारांची परिस्थिती चालू उरतली, अशें सांगलां. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण जम्मू-काश्मीर, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, मध्य प्रदेश, पंजाब आनी उत्तर प्रदेशांत लेगीत आयज, एकसुरे सुवातेर उश्णतायेचे ल्हार आसतले. जाल्यार बिहार, सौराष्ट्र आनी कच्छ हांगा उश्ण आनी दमट हवामानाची परिस्थिती आसतली.

मजगतीं, दर्यादेगेवेलो कर्नाटक, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल ह्या सुवातांनी, घोग्यांनी पावस पडटलो, असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- सरकारान, अहमदाबाद विमानतळ अपघाता फाटल्या कारणांचो तपास करपाखातीर, एक उंचेल्या पावडयावेली बहुपक्षीय समिति स्थापन केल्या.

- इराणान इझ्राएलाचेर हल्लो करून, इझ्राएलाच्या शारांचेर शेंकड्यांनी क्षेपणास्त्रां आनी ड्रोन सोडले.

- येता त्या म्हयन्यां खातीर देशांत फावो तितली इंधन पुरवण आसा, अशें केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप पुरी हांणी सांगलें.

- उत्तर भारतांत, उश्णतेची खरसाण कायम. काय वाठारांनी तापमान ४५ अंश सेल्सियस मेरेन वाढला. राजस्थानांत रेड अलर्ट जारी.

- जर्मनींतल्या म्यूनिकांत जाल्ल्या ISSF विश्वचषकांत, बायलांच्या 10 मीटर हवाई पिस्तूल सर्तीच्या फायनलींत, भारताची सुरुची सिंग हिणें भांगरा पदक जिखलां.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार